# <u>राज्यपालाकडल्यान गोंयच्या लोकांक दसऱ्याची परबीं</u>

ता. 14 ऑक्टोबर 2021

राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी गोंयच्या लोकांक दसऱ्याच्या शुभप्रसंगार हुनहुनीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्यात.

राज्यपाल आपल्या संदेशात म्हणटा, दसऱ्याच्या/विजयादशमीच्या उत्सवान णव दिसांच्या नवरात्रां उत्सवाची सांगता जाता. देशांत सगळीं कडेन धर्म, जात-पात विरयत व्हडा उमेदीन मनोवपात येवपी हो म्हत्वाचो उत्सव आसा. प्रत्येक प्रातांत ह्या उत्सवाचो वेगवेगळो धर्मिक अर्थ आसलो तरी हो उत्सव बऱ्या गुणांनी वायट प्रवृत्तीचेर मेळयिल्ल्या जैताचे प्रतिक म्हूण तीच भावना आसा. लोकांक एकठांय दवरपाक आनी देशाची एकता आनी अखंडताय राखपा खातीर अशां उत्सवांची भुमीका तोखणायेची आसा.

हो उमेदीचो उत्सव मनयताना हांव सगळ्यां भक्तांक भलायकी आनी सुरक्षा शिश्टांचारांक पाळो दिवपाचो उलो मारता.

ह्या वर्सा दसऱ्याचो उत्सव गोंयच्या लोकांक चड शांतीकाय, खुशालकाय आनी भरभराट घेवन येव, अशें राज्यपाल म्हणटा.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/859

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji